# पर्यटन मंत्र्याहस्तूकीं दत्ताराम काणेकर नाटय महोत्सवाचे उक्तावण

ता.20 एप्रिल 2018
30 चैत्र 1940

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी काल न्हयबाग-पेडणे हांगा कला आनी संस्कृती खाते, सतीयादेवी केदारनाथ नाटयमंडळ आनी श्री स्वामी न्यास पेडणे हांच्या जोडपालवान आयोजित केल्ल्या सर्गेस्त दत्ताराम काणेकर नाटय महोत्सव 2018 चे उक्तावण केले.

हया वेळार उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी सर्गेस्त दत्ताराम काणेकर हे आयच्या तरणाटयांखातीर प्रेरणा आनी आदर्श आशिल्ल्याचे सांगले. पेडणे म्हालात रविंद्र भवन जावचे हे सर्गेस्त काणेकराचे स्वप्न आशिल्ले आनी ते धारगळ वाठारात रोखडेच पूर्ण जातले, अशें तांणी सांगले.

कला आनी संस्कृती खात्याचे पालवी संचालक श्री. मिलींद माटे, पंच वांगडी श्री. राकेश स्वार, श्री. राजेश हळर्णकर, श्री. गजानन सावळ देसाय, जयेंद्रनाथ हळदणकर, श्री. राजमोहन शेटये, श्री. शशिकांत पुनाजी, श्री. साईदास स्वार, पुंडलीक पिळर्णकर आनी हेर मानेस्त हयावेळार उपस्थित आशिल्ले.